आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरो

04.04.2025 @7.20

मुखेल खबरो

1 गोंयांत नियोजित आकांतवाद तशेचं मोबायल लिनकीग विंशीचे न्याय दंड संहिता काद्याच्या मार्गदर्शक तत्वा प्रमाण गुन्हायवाचेंर कारवाय जातली अशे मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हानी म्हणला

2 रस्त्याचेर गाडी चलयताना नेम मोडल्यार आता चलन दिवपाची प्रक्रिया आता सरकारान आनीक कडक केला

3 भैशिक सुवातीनी पर्यटक खाता , रांदताना दिसले जाल्यार पुलिस तांचेर कारवाय करतले मुखेलमंत्र्यांची शीटकावणी

4 डॉक्टर बाबासाहेब आंबेडकर जयंती निमतान फोंडा अनुसूचित जाती संघटणेनेची ६ एप्रीलाक सृजनोत्सव कार्यावळ

5 दिग्गज अभिनेता आनी फिल्म निर्माता मनोज कुमार संसरांक अंतरले

--------------

भारतीय न्याय संहिता कायद्यावरवी गोंयांत नियोजित आकांतवाद तशेचं मोबायल लिनकीग विंशीचे 8 गुन्याव कलम111 आनी 102 वरवी नोंद जाल्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. न्याय दंड संहिता काद्याच्या मार्गदर्शक तत्वा प्रमाण ह्या गुन्हायवाचेंर कारवाय जातली अशे मुखेल मंत्र्यान सांगला. गोंयात आशिल्लया 53 न्यायलयांनी, जिल्होधिकारी कार्यालय, पुलिस स्टेशनांक व्हीडोयो कोन्फरेन्सिगांची सुविधा, तशेचं पोस्ट मोर्टमाचो ई-अहवाल थेट फोरन्सिंक विभागकडल्यान पुलिस खात्याक दिवप, पुलिस अधिकाऱ्यांची ,तशेच गृह खात्याच्या अधिकाऱ्यांक इ-शिक्षा एपावरवी प्रशिक्षण,तीन फोर्नसिक व[illegible] घेवप.

वेळात चार्जशिट फायल केली ना जाल्यार संबंधित अधिकाऱ्याचेर सोमतीच कारवाय, केंद्रिय गृह मंत्रालयाकडल्यान गोंयाक ICGS वरवी मेळील्लो 4.8 कोटी रुपया निधोचो गृह खात्याक लागपी यंत्रणेखातीर उपेग करप अशा साबार विषयांचेर आयज निर्णय जाल्यात. Byte

रस्त्याचेर गाडी चलयताना नेम मोडल्यार आता चलन दिवपाची प्रक्रिया आता सरकारान आनीक कडक केला. ह्यानफुडे दिसाच्या वेळार चलन दिवपाचो हक्क बॉडी कॅमेरा लावंन आशिल्लया पुलिस निरीक्षकाकुच आसतलो, जाल्यार राती उसरा पुलिस निरीक्षक तशेंच उप निरीक्षक चलन दिंवक शकतले. हेर पुलिसांक चलना दिवपाक मेळची ना अशी म्हायती मुखेलमंत्री तशेंच गृहमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिला.जाल्यार आर्टीफीशियल इन्टेलिजन्स यंत्रणेचो उपेग करुन डेश कॅमेरा, सिग्नाचेर आशिलले कॅमेरा वरवी फोटो काडुन चलन थेट नेम मोड्याप्याच्या घरा धाडटले अशे मुखेलमंत्र्यान कळीत केला. हाका लागून रस्त्याचे नेम आनी शिस्त पाळपाक , तशेचं पुलिशेकडल्यान लोकांची सतावणुक जावपाची जी कागाळ येता ताका आळबन्द हाडपांक हो निर्णय घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिली byte

वक्फ दुरुस्ती विधेयकाक मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी येवकार दिला.गोंयांत वक्फ मंडळाची मालमत्ता ना, ताका लागुन गोंयातं ह्या विधेयकाचो कांयच परीणाम जावचो ना, गोंयांत राबीतो करपी हिंदु , ख्रिस्ताव, तशेंच मुस्लिम नागरीकांनी सर्वधर्म समभावाचे तत्व आपणावन राज्यातलो एकचार आनी शांतीकाय तिगोवन दवरची अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणाला. वक्फ दुरुस्ती विधेयका उपरांत पारदर्शकता, प्रसासकीय पावंड्याचेंर वक्फ मंडळाकडे आशिल्ली मालमत्तेची डिजीटल नोंदणी करप जातले , राष्ट्र हिताच्या नदरेतल्यान हे विधेयक महत्वाचे आसा अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणाला.

गोंयांत शेगडी, सिलिंडर, स्टोव घेंवन येवपी पर्यटकांक हे फुडे गोंयच्या शिमेर आडावन ते सामान जप्त करतले, तशेंच ह्या पर्यटकांचेर खर कारवाय जातली अशी शिटकावणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोंयातं येवपी कांय

पर्यटक रस्त्या कुशीक गाडी वा बसी थांबोवन रांदतात, आनी उपरातं त्या सुवातीचेंर कोयर उडोवन वता अशे  नदरेक आयला , भैशिक सुवातीनी अशे पर्यटक खाता , रांदताना दिसले जाल्यार पुलिस तांचेर कारवाय करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.byte

राष्ट्रीय न्यायालयीन विज्ञान विद्यापीठ नफसु गोंय कम्पसत भारत आंतरराष्ट्रीय कायदेशीर शिक्षण आनी संशोधन विद्यापीठ IIULER गोंयच्या सहकार्यान नव्या गुन्यांवकारी कायद्यांत न्यायालयीन आनी तंत्रज्ञानाचेर दोन दिसांची राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. भारताच्या विकसीत जावपी कायदेशीर चौकटींतल्यान न्यायालयीन शास्त्र आनी अत्याधुनीक तंत्रगिन्यानाचें गुंतागुंतीचें खंडन सोदून काडपाचो हो उपक्रम आसा. या दोन दिसाच्या कार्यशाळा कार्यावळीचे उक्तावण आज सकाळी जाले. चडांत चड गुंतागुंतीचे गुन्यांव आनी कायदेशीर सुदारणांचो कायदेशीर परिदृश्याक नवो आकार मेळिल्ल्यान न्यायालयीन शास्त्र एक अत्यावश्यक खांब म्हूण उदेला. हे कार्यशाळेंत प्रगत न्यायालयीन पद्दती, डिजिटल न्यायालयीन, आनी गुन्यांव जाल्ल्या सुवातेर तपास तंत्रांचेर भर दितले. सहभागीक अत्याधुनीक न्यायालयीन साधनां, डिजिटल पुरावो वेवस्थापन, आनी गुन्यांव जाल्ल्या सुवातेर पुनर्बांदणी हांचे वांगडा हाताळणी प्रशिक्षणांत वांटो घेतले, जाका लागून शिकपाचो एक समग्र अणभव सुनिश्चीत जातलो.

मडगावच्या गोमंत विद्या निकेतन संस्थेचो ११३ वो वर्धापनदिस सुवाळो आयतार ६ एप्रिलाक मनयतले त्यानिमतान वर्सुकी दिवपी तीन पुरस्कार भेटयतले अशे संस्थेचे अध्यक्ष सलील कारे हांणी जाहीर केले. अंदू वर्साचो केशव अनंत नायक यादस्तिक समाजसेवक पुरस्कार गोंयांत फाटली ३० वर्सां वनीकरणाचे काम करपी संदीप कामत आजरेकार हांकां फावो जाला. काशिनाथ दामोदर नायक यादस्तिक सामाजिक कृतज्ञता पुरस्कार ल्हान भुरग्यांच्या मानसिक आनी शरिरीक उदरगतीखातीर काम करपी सेतू ह्या संस्थेक फावो जाला. बायल उद्योजकाक दिवपी पिरुबाय दलाल यादस्तिक स्वयंसिद्धा पुरस्कार पणजीतल्या कोकम करी ह्या रेस्टॉरंटाचे सहसंचालिका सपना सरदेसाय जाल्यार मराठी काव्य क्षेत्रात

योगदान दिल्ल्याखातीर दिवपी कविवर्य दामोदर अच्युत कारे यादस्तिक गोमंतदेवी पुरस्कार कवी द. भा. धामणस्कर हांकां फावो जाला. ६ एप्रिल सांजवेळा ६ वरांचेर फोमेन्तो एम्फी थिएटर सभाघरात जावपी सुवाळ्यात हे पुरस्कार भेटयतले.टायम्स ऑफ इंडियाचे गोंयचे निवासी संपादक राजेश मेनन हे मुखेल सोयरे आसतले

अर्थीक सर्वेक्षण अहवाल विधानसभेंत सादर जाले उपरांत वीज आनी शार नियोजन खात्याच्या येणावळीच्या आंकड्यांनी बदल केला. हो अहवाल सभाघरांत सादर जाले उपरांत येणावळीच्या आंकड्यांनी जाल्ले बदल हो गंभीर प्रकार असा देखुन आपाचे आमदार वेंझी व्हिएगस हांणी चवकशीची मागणी करपी पत्र विधानसभा सचीवाक बरयलां. हो प्रस्न केंद्रीय पांवड्यार व्हरतलो अशेंय तांणी पत्रकार परिशदेंत स्पश्ट केलें. आमदार वेंझी व्हिएगस हांणी पणजेंत पत्रकार परिशदेत राज्याचो अर्थीक सर्वेक्षण 2024-25 वर्साचो अहवाल सभाघरांत सादर केलो. ह्या अहवालात शार नियोजन, वीज, येरादारी आनी हेर खात्यां खातीर फाटल्या पांच वर्सांचे येणावळीचो आंकडो दिलां.

मुलाखत

न्हंय उदका येरादारी खात्यांत सहाय्यक स्टोर कीपराच्या रजेच्या कालावधीत कंत्राटी पद्धतीन सहाय्यक स्टोर कीपराची नेमणूक करपा खातीर वॉक इन इंटरव्हयू दवरल्या सुमार २६,७४५/- मासिक पगार

इत्सूक उमेदवारांनी पुराय नांव, पत्तो ईमेल आनी मोबायल क्रमांक तशेंच पासपोर्ट आकाराचो फोटो, गोंयांत 15 वर्सांचो राबितो प्रमाणपत्र आनी स्वता प्रमाणीत केल्ल्या फोटो प्रती घेवन न्हंय उदका येरादारी खातें, गुरूद्वारा समोर बेती. हांगा 9 एप्रिलाक सकाळीं १०:०० ते दनपारां १:०० मेरेन येवचे मान्यताय प्राप्त मंडळा कडल्यान डिप्लोमा प्रमाणपत्र. दुकानां वेवस्थापन करपाचो एक वर्साचो अणभव. संगणकाचो उण्यांत उणो तीन म्हयने प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम. कोंकणीचें मराठी भाशेचें गिन्यान आणि 45 वर्सां परस चड आसूक फावना

डॉक्टर बाबासाहेब आंबेडकर जयंती निमतान फोंडा अनुसूचित जाती संघटणेन ६ एप्रीलाक सृजनोत्सव कार्यावळीचे आयोजन केला. ह्या निमतान राज्य पांवड्यावेल्यो सांस्कृतिक सर्ती जातल्यो. ह्या कार्यावळीक सगळ्या तालुक्यातल्या कार्यकर्त्यांनी हजर रांवचे अशे फोंडा अनुसूचित जाती संघटणेचे अध्यक्ष ज्ञानेश्वर कवळेकर हांणी मागला. फोंडेंच्या गोवा विद्यायप्रसारक मंडळ सभाघरात जावपी ह्या सृजनोत्सवाचे उक्तावण वीजमंत्री सुदिन ढवळीकर हांच्या हस्तुकी जातले जाल्यार समारोप सुवाळ्याक कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हाजीर रावतले अशी म्हायती जाळवणादारांनी दिली. सृजनोत्सव कार्यावळीत कराओके सर्त, वेशभूषा, टग ऑफ वॉर आनी हेर सर्ती जातल्यो.

मुरगांव बंदराच्या धक्क्यांचें खासगी कारण जाल्ल्या कारणान फुडाराक बंदराची उदरगत निश्चितच जातली अशीम्हायती मुरगांव बंदर प्रधिकरणाचे चेअरमन डॉ. एन. विजयकुमार हानी दिल्या. प्रधिकरणान हालीच १० आनी ११ नंबराचे दोन धक्के डेल्टा कंपनीक ३० वर्सा खातीर चलोवपक दिल्या. कंपनीन १४० कोटी रुपया खर्च करून आयच्यान आपलें काम सुरू केला. बंदर प्रधिकरणाची आर्थिक परिस्थिती वायट आशिल्ल्या कारणान १४० कोटी रुपया खर्च करप शक्य ना. डेल्टा कंपनीन हातुंत फुडाकार घेतिल्ल्यान वखदी उत्पादन तशेंच हेर मालाची कंटेनरावरवी येरादारी करप शक्य जातलें आणि मुरगांव बंदर प्रधिकरणाचीय येणावळ वाडटली अशे डॉ. एन. विजयकुमार हानी म्हळे

दिग्गज अभिनेता आनी फिल्म निर्माता मनोज कुमार हांका आयज मरण आयले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ही विशी दुख्ख उक्तायलें. भारतीय सिनेमांतलो एक आदर्श आनी प्रेरणादायी व्यक्ती म्हूण तांणी मनोज कुमाराची तोखणाय केली आनी आपल्या देशभक्तीच्या चित्रपटांक लागून ते खासा याद उरतले अशें म्हणला

तापमान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 35.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.8 डिग्री सेल्सिअस दाबोळे नोंद जाला आनी हवेतली आर्द्रता 69 % नोंद जाला. राज्यात 35-26 डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले. राज्यात जरी तापमान सुके आसतले पूण काय एकसूरया सुवातिनि गडगडासयत वीज आणि पावस पडू येता तशेच वारे 30 ते 40 किलोमीटर वेगान व्हावतले असो आदमास वेध शाळेन उकतायला

कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता संचालनालयान सरकारी आयटीआयंत "खाजगी उमेदवार" म्हूण प्रवेश घेवपी इतसुक उमेदवारांक 8 एप्रिल मेरेन सकाळीं 10.00 ते सांजे 5.30 मेरेन प्रवेश सुरू केला.इत्सूक उमेदवारांनी प्रवेश प्रक्रिया पुराय करपा खातीर संबंदीत सरकारी आयटीआय कडेन संपर्क सादचो.

नमस्कार